# राष्ट्रीय स्वेच्छा रक्तदान दीस पाळलो

पणजी, 04 ऑक्टोबर 2018

आश्विन 12, 1940

गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेन आयज गोंय विद्यापिठांत आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमांत राष्ट्रीय स्वेच्छा दीस पाळलो. भलायकी सचीव श्री. जे. अशोक कुमार कार्यक्रमांक मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयतना श्री. जे. अशोक कुमार हांणी रक्तदानाचें म्हत्व पटोवन दितना विद्यार्थ्यांनी आपूण जांवन रक्तदान करपाक फुडें येवपाचो उलो मारलो. रक्तदानातल्यान दुसऱ्या मनशाचो जीव वाटोवपाक मजत जाता अशेंय तांणी म्हणले.

कार्यक्रमांक मानाचे सोयरे म्हण हजर आशिल्ले गोंय विद्यापिठाचे प्रो. व्हाय. व्ही. रेड्डी हांणी संबंदीत यंत्रणांनी तरणाट्यांक रक्तदान करपाक प्रोत्साहन दिवपाचो तशेंच, लोकांमदीं रक्तदाना विशीं जागृताय करपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं रक्तदानाचें म्हत्व पटोवन दिवपी पोस्टर आनी पुस्तिकेचें विमोचन जालें.

भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, गोंय एड्स नियंत्रण संस्थेचे प्रकल्प संचालक डॉ. जुजे डिसा, पालवी संचालक उमाकांत सावंत, गोंय विद्यापिठाच्या विद्यार्थी कल्याण विभागाचे प्रो. दत्तेश परुळेकर, मुख्य वैजकीय अधिकारी डॉ. चंद्रकांत परब हेंवूय ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/अगा/सुना/2018/ 1622**